गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी - गोंय

पत्रक

**<u>विध्यार्थ्यांनी स्पर्धात्मक परीक्षांनी गुणवत्ता मेळोवपा खातीर प्रयत्न करचे - मुख्यमंत्री</u>**

ता. २४ डिसेंबर 2019

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी विध्यार्थ्यांक भारतीय प्रशासकीय सेवा, बँकिंग, रेल्वे सेवा अशा वेगवेगळ्या सेवांच्या स्पर्धात्मक परिक्षांनी यश मेळोवपाचो उलो मारून विध्यार्थ्यांक अशा स्पर्धात्मक परिक्षा खातीर तयार करपाक फुडल्या वर्सा सावन गोंयातल्या सगळ्यां सरकारी महाविध्यालयांनी कोचिंग वर्ग सुरू करपाचो सरकारान निर्णय घेतिल्ल्याचे सांगले.

मुख्यमंत्री काल कुजीरा-बांबोळी हांगा एस. एस. धेंपे वाणिज्य महाविध्यालयाच्या वर्सूकीं बक्षिस वितरण कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हुण उलयताले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्याहस्तूकीं वेगवेगळ्या सर्तीतल्या जैतवंत विध्यार्थ्यांक इनामां भेटयली तशेंच गुणवान विध्यार्थ्यांचो गौरव केलो. मुख्यमंत्र्यांहस्तूकीं निवृत्त प्रोफेसर श्री. प्रविण गावकर हांचोय ह्या वेळार भोवमान जालो.

धेंपो चेरिटीस ट्रस्टाचे अध्यक्ष श्री. श्रीनिवास धेंपो, प्रशासक श्री. राजेश भाटीकर, महाविध्यालयाच्यो प्राचार्य श्रामती राधिका नायक, उपप्राचार्य श्रीमती गौरी तांबा आनी सांस्कृतीक प्रमूख श्रीमती विभा पै आंगले माचयेर हजर आशिल्ली.

सुरवातीक श्री. श्रीनिवास धेंपो हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो जाल्यार जनरल सेक्रेटरी श्री. अन्वेष गावस हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ प्रधु/२०१९/८७४

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA